# 17 ते 19 जानेवारी मेरेन 8 वो गोंय पक्षी महोत्सव

ता. 10 जानेवारी 2025

राना खात्यान 17 ते 19 जानेवारी 2025 मेरेन काणकोण म्हालातल्या खोतिगांव वन्यजीव अभयारण्यांत 8 व्या गोंय पक्षी महोत्सवाचे आयोजन केला. तीन दिसांच्या महोत्सवात पक्षीप्रेमी आनी वन्यजीव जाणकारांक गोंयच्या समृध्द अशां सुकण्यांच्या जीणेचो अभ्यास करपाची संद मेळटली. तशेंच सुकण्यांच्या जातींचो सांबाळ, वन्यजीव फोटोग्राफी, पक्षी पर्यटन, सुकण्यांची जीण आनी सुकण्यांचे शास्त्र अशां विशयांचेर महोत्सवात भर आसतलो.

महोत्सवाचो उक्तावण कार्यक्रम 17 जानेवारी दिसा इंटरनॅशनल सेंटर गोवा, दोनापावला हांगा जातलो. राना खात्याचे मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांच्या हस्तुकीं गोंय राना विकास म्हामंडळाच्यो अध्यक्ष आनी मुख्य सचिवांच्या उपस्थितीत महोत्सवाचे उक्तावण जातले. ह्या वेळार गोंयच्या सुकण्यांच्या जातीवयल्या दोन पुस्तकांचे विमोचन जातले. तशेंच गोंयच्या वन्यजीव अभयारण्यांच्या पक्षी मॅस्कॉटाचे अनावरण जातले.

महोत्सवानिमतान सुकण्यांच्या जीणेचेर पक्षीतज्ञांची व्याख्यानां आनी चर्चासत्रां जातली. उत्तराखंड राना विभागाचे प्रधान मुख्य राना संरक्षक आनी पक्षीतज्ञ डॉ. धनंजय मोहन, पक्षी छायाचित्रकार इंद्रजीत घोरपडे, पक्षीतज्ञ डॉ. प्रणय वैद्य, पर्यावरण तज्ञ डॉ. मधूरा निंफाडकर, पक्षीतज्ञ निरव भट हांची व्याख्यानां आनी चर्चासत्रां जातली.

ह्या महोत्सवांत वांटेकार जावपाक नोंदणी करपा खातीर https://birdfestival.goa.gov.in/ ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची. नोंदणी 14 जानेवारीक बंद जातली. नोंदणी शुल्क 3500/- रूपया (विद्यार्थ्यां खातीर 1000/- रूपया) आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/37

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.